Panaji Regional news

30th May 2025, 7.20 pm

साक्षरता

केद्र सरकाराच्या उल्हास ह्या साक्षरता वजणेवरवी पुराय साक्षर जावपी गोंय हे देशातले दुसरे राज्य थारला. जाल्यार गोंयासयत मिझोराम राज्य आनी केद्र शासीत प्रदेश आशील्ल्या लद्दाखाचो आसपाव आसा.2030 मेरेन भारताक पुराय साक्षर करपाच्या फांटभुयेर उल्हास हो उपक्रम जन जन साक्षर ह्या संकल्पनेवरवी सुरू केला.आयज घटक राज्य दीसाच्या कार्यावळीत औपचारीक रीत्या गोंय 99.95% साक्षर आशील्ले राज्य म्हण मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत आनी केंद्रीय शिक्षण जोड सचीव अर्चना अवस्थी हांणी घोशीत केल्या. जाल्यार साक्षरतेउपरांत आता क्षयमुक्त गोंय करपाची मोख दवरला अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.ह्या उपक्रमावरवी गोयांत 6,299 जणांनी नोंदणी केल्ली.हांतुल्ल्या 2136 जणानी शिक्षण घेतले जाल्यार 4163 जणांनी भलायकी बरी नाशील्ल्यान आनी वय जाल्ल्यान उपक्रमात वाटो घेंवक ना अशीृम्हायती ह्यावेळार SCERT ची संचालक मेघना शेटगांवकार हांणी कार्यावळी उपरांत घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार दील्या.

घटक राज्य दीस

.39 वो घटक राज्य दीस मनयतना गोयाची संस्कृताय ,इतीहास,कलची जतनुक तशेच साधन सुविधा,सयत मानवी उदरगत आनी गोंयचो hapiness index वाडोवपाच्या नदरेतल्यान सरचार काम करता अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.विकसीत भारत 2047 करतना गोयांक 2037 मेरेन विकसीत स्वयंपुर्ण गोंय करपाची मोख राज्य सरचारान दवरला .विकसीत गोंय करपाक खास करून तरणाट्यांनी योगदान दीवप महत्वाचे आसा अशे मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार म्हणला.
आयज गोंयचो 39 वो घटक राज्य दीस.हे फांटभुयेर आयज कला अकादमीत घटक राज्य दीसाची शासकीय कार्यावळ आयोजीत केल्ली..कार्यावळी दरम्यान सुटके 32 झुजाऱ्याच्या

भुरग्यांक सरकारी शीरवीशीत नेमणुक करपाची पत्रा दीली.हे शीवाय बरे काम करपी 5 म्हामंडळाचे भौमान जालो,गोंयाक फामाद करपी 10 वेवसायीक उद्देजक आनी brand houseचो भौमान ह्यावेळार जालो,तशेंचा गोंयच्या देवळाची म्हायती

दीवपी coffee table book launch,मुखेलमंत्री सावंत हांच्या 6 वर्साच्या कार्यकाळात केल्ल्या कामाचो नियाळ दीवपी reforms book launch करपाची कार्यावळ जाली

**मडगाव**: गोय राज्याचो ३९ वो घटकराज्य दिस सुवाळो आज मडगाव हांगा मनयलो. ह्यावेळार मडगावचे आमदार हाणी ऑपरेशन सिन्दुर हे मोहिमेत धाडसी काम केल्ल्या जवानांची तोखनाय करताना विद्यार्थ्यांनी आणि युवकांनी गोय आनी देशाचे उदरगती खातीर वावर करचो उलो दिलो.

ह्यावेळार ८९ हुशार विद्यार्थ्यांचो भोवमान केलो. गोय राज्य इनोवेशन मंडळाचे अध्यक्ष जुझे मॅन्युएल नोरोन्हा हे हाजिर आसले. ताणी विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन केले. विद्यार्थ्यांचेर कोणेय दडपण हाडचे न्हय आणि तांका फुडें वचपाक वाव दिवचो अशी सुचोवणी केली.

ह्या कार्यावळीक भाटीकर मॉडेल हायस्कूलच्यो मुख्याध्यापिका मनिषा धुमे आणि रवींद्र भवन मडगावचे उपाध्यक्ष मनोहर बोरकर हे हाजीर आसले.

**एनसीसी**

देशांतली अंतर्गत सुरक्षा वेवस्था घटमूट करपा खातीर राज्य शिक्षण संचालनालयान एनसीसी कॅडेटांनी नागरी संरक्षण स्वयंसेवक म्हणून नोंदणी करची अशें आवाहन केलां. सरकारी आनी अनुदानीत माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक शाळांतल्या एनसीसी विद्यार्थ्यांनी ह्या मोहिमेचो चडान चड लाव घेवंचो अशे शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे हांणी आवाहन केलां. माध्यमीक आनी उच्च माध्यमीक शाळांच्या प्राचार्यांनी आपल्या विद्यार्थ्यांक हे संबंदी म्हायती दिवची अशेंय तांणी सांगलां. उत्तर गोंयात पणजी आनी दक्षिण गोंयात मडगांव ह्या दोनूय मुखेल शारांनी नागरी संरक्षण स्वयंसेवकांची नोंदणी करपा खातीर होमगार्ड संघटनेन खाशेली मोहीम सुरू केल्या. हे प्रशिक्षित नागरी संरक्षण स्वयंसेवक उपरांत आणीबाणीच्या वेळार लोकांक मजत करपाक, मालमत्तेचें लुकसाण जावचें न्हय, उत्पन्नाचें लुकसाण जावचें न्हय आनी उत्पादन हानी राखपाक मदत करतले

अशें तांणी सांगलें. नागरी संरक्षण स्वयंसेवक म्हणून नोंदणी करपा खातीरचे अर्ज होमगार्ड आनी नागरी संरक्षण संघटणेच्या आल्तीन कार्यालयात उपलब्ध आसात अशें ह्या संबंधीच्या परिपत्रकांत म्हणलां.

**प्रदर्शन**

गोंयात पोर्तुगीज राजवटी वेळार सौधीय राजे संस्थान आनी पोर्तुगीज मदी आशिल्ले मोडी लिपीतल्या समन्वयीय पत्रवेव्हाराचे प्रदर्शन गोंय पुरात्व खात्यान पणजे कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या art gallary आयोजित केला.

गोंयांत सन 1755 ते 18 शतकापर्यंत पोर्तुगीज आनी सौंधे राजवटीच्या काळातल्या पत्रवेव्हाराचे दस्तएवज ह्या प्रदर्शनात पळोवपाक मेळटा. फुडारात ह्या दस्ताएवजाचो अभ्यास , संशोधन जावन भुतकाळातल्या गोंयच्या इतिहासाक परत एकदा जाणुन घेवपाची संद ह्या प्रदर्शनाच्या माध्यमातल्यान उत्ती जाल्या अशी म्हायती गोंय पुरातत्व खात्यचे मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी प्रदर्शनाचे उक्तावण केल्या उपरांत दिल्या.

प्रदर्शनावेळार गिरीश मालवणणकर लिखित सौधे संस्थानाच्या इतिहासाची साधने ह्या पुस्तकाचे मंत्री सुभाश फळदेसाय हांच्या हस्तुकी प्रकाशन जाले.

हे प्रदर्शन 31 मे ते 9 जुन मेरेन सकाळी 10 ते सांजेचे 5 वरामेरेन पळोवप्याखातीर उक्ते आसतले अशे गोंय पुरातत्व खात्यान ह्यावेळार कळीत केला.

**योग दीस**

दरवर्सा प्रमाण अंदू लेगीत 21 जून हो संवसारीक योग दीस देशासयत गोंयांत मनयलो वतलो. हे दिसा सगळया सरकारी कार्यालयांनी तशेच शिक्षणीक संस्थांनी योगाच्यो कार्यावळी आयोजित करच्यो पडटल्यो. सगळया सरकारी कर्मचाऱ्यांनी योगासना करप बंधनकारक आसा.एखाद्या कर्मचाऱ्यांन कार्यालयातल्या योगा कार्यावळीत वाटो घेतलो ना, जाल्यार आनी हेर कार्यावळीत वाटो घेतलो. जाल्यार ताका योगासना करतानाचो फोटे काडून तो खात्याच्या मुखेलीक सादर करचो पडटलो. अशें परिपत्रक सर्वसामान्य प्रशासन फाट्यान जारी केलां. मुखेलींनी 21 जून रोजी योगासनाची कार्यावळ आयोजीत करपाची वेवस्था करपाक जाय. भारत स्वाभीमान ट्रस्ट, तपोभूमी योग गुरूकुल, पतंजली योग समिती, ईशा फाउंडेशन, गोमंत आयुर्वेद म्हाविद्यालय हे सारख्या संस्थांची कार्यावळ आयोजीत करपाक मजत घेवपाक हरकत ना. खात्याच्यो तशेच खात्याच्या हेर

कार्यालयातल्या योगा कार्यावळींची नोंदणी 21 जून दिसा yoga.ayush.gov.in/yoga-sangam हाचेर अपलोड करप आवश्यक आसा.

## पावंस

राज्यांत  २० ते २९ मे ह्या धा दिसांच्या काळांत  सरासरी २५.०९ इंच पावसाची नोंद जाल्या. अंदू मान्सून 11 दिस पयली दाखल जाला.

राज्यांत फाटले दोन दीस पावसाचे प्रमाण वाडला. फाटले चोवीस वरांनी राज्यांत सरासरी २.७५ इंच पावसाची नोंद जाली. मजगतीं केप्यां ६.६९ इंच, सांग्यांर ५.३१ इंच, काणकोणा ४.६१ इंच, मडगांवां ४.१० इंच जाल्यार पणजे ३.७३ इंच पावसाची नोंद जाल्या.

राज्यांत ३१ मे तशेच १ आनी २ जुनाक पावसाचो येलो अलर्ट जारी केला.